**शनी पियार्ची उत्सवाखातीर एसओपी**

ता. 23 डिसेंबर 2020

पुडुचेरीतल्या थिरूनल्लरू हांगाच्या श्री धारबारणेश्वर स्वामी देवस्थानाच्या श्री शनिश्वर भगवान मंदीरांत ता. 27 डिसेंबर 2020 दिसा शनी पियार्ची उत्सव मनोवपात येतलो. भक्तगण न्हय फकत उत्सवाच्या दिसा जाल्यार फुडल्या 48 दीस मेरेन श्री शनिश्वराचे दर्शन घेवपाक व्हडा संख्येन येतात. पुण, ह्या वर्सा कोवीड महामारीची परिस्थिती आशिल्ल्यान पुडुचेरी सरकाराच्या करायकल जिल्हा प्रशासनान लोक/भक्तगणां खातीर अनेक निर्बंध लागू केल्यात. फकत ऑनलायन नोंदणी केल्ल्या आनी प्रवेश पास आशिल्ल्याच लोकांक दर्शना खातीर देवस्थानात प्रवेश मेळटलो. तशेंच पवित्र तळयेंत न्हांवपात परवानगी आसची ना.

कोवीड महामारीच्या परिस्थितीत सुरक्षीत दर्शनाखातीर लोक, भक्तगण, बस/कॅब/टॅक्सी ऑपरेटरांनी प्रशासनाक सहकार्य करपाची मागणी पुडुचेरी सरकाराच्या करायकल आपत्ती वेवस्थापन प्राधीकरणान केल्या, अशें उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/663

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa